# उद्देगीक कामगांर आनी उद्देजकां खातीर जागृताय कार्यक्रम

ता. 26 सप्टेंबर 2025

कामगांर आनी रोजगार आयुक्ताच्या कार्यालयान कर्मचारी भविश्य निर्वाह निधी संघटनेच्या गोंय विभागीय कार्यालयाच्या जोड पालवान सेवा पखवाडा मोहिमेचो एक भाग म्हूण ता. 29 सप्टेंबर 2025 दिसा सकाळी 10.30 वरांचेर मल्टिपर्पज हॉल, संस्कृती भवन, पाटो-पणजी हांगा उद्देगीक कामगांर आनी उद्देजकां खातीर जागृताय कार्यक्रमाचे आयोजन केला.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकीं कामगांर आनी रोजगार मंत्री श्री. आतानासियो मोन्सेरात हांच्या उपस्थितीत कार्यक्रमाचे उक्तावण जातले.

कामगांर सचीव श्री. संदीप जॅकिस, कामगांर भविश्य निर्वाह निधी कार्यालयाचे अतिरिक्त आयुक्त श्री. आरिफ लोहानी, गोव चेंबर ऑफ कॉमर्स एण्ड इंडस्ट्रीजचे अध्यक्ष श्रीमती प्रतिमा धोंड, कामगांर भविश्य निर्वाह निधी संघटनेचे सीबीटी सदस्य सचीन बी. सबनिस, कामगांर आनी रोजगार आयुक्त राजेश एस. आजगांवकर, विभागीय भविश्य निर्वाह निधी आयुक्त रामकेश मिणा, अतुल कोटकर आनी हेर अधिकारी कार्यक्रमाक उपस्थित आसतले.

उद्देगीक कामगांर आनी उद्देजकांक केंद्र आनी राज्य सरकारान कामगारांच्या फायद्या खातीर अंमलबजावणी केल्ल्या प्रधानमंत्री विकसीत भारत रोजगार येवजण, कामगांर आनी मालक नोंदणी प्रोत्साहन येवजण, राज्य कामगांर कल्याण मंडळाच्यो येवजण्यो आनी अशां हेर विवीध येवजण्यांची म्हायती करून दिवप हो ह्या जागृताय कार्यक्रमाचो उद्देश आसा.

तशेंच संबंदीत अधिकारी आनी उद्देजकांच्या प्रतिनिधींमदी कामगारांच्या प्रस्नांचेर आनी येवजण्यांचेर चर्चा जातली.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/791

--

------------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.